**गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयांतल्या पद्व्युत्तर/पदवीका जाग्यांखातीर प्रवेश**

ता. 13 जानेवारी 2022

गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयान गोंय विद्यापिठाच्या गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयांतल्या शालेय वर्स 2020-21 खातीरच्या राज्य कोट्यातल्या 50 टक्के पद्व्युत्तर पदवी आनी पदवीका जाग्यांखातीर भारतीय वैजकीय मंडळ आनी राज्य वैजकीय मंडळाकडेन कायम नोंदणी केल्ल्या आनी NEET-PG 2020 परीक्षा दिल्ल्या पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्या. 5 टक्के PG जागे MCI पात्रता पूर्ण करपी अपंगूळ उमेदवारांखातीर राखीव आसतले. जाग्याविशींची सविस्तर म्हायती आनी नेम गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्या नोटिस बोर्डार लायल्या.

प्रवेश प्रक्रिया फुडलें कार्यावळींप्रमाण जातली- प्रवेश अर्ज 17 जानेवारी 2022 मेरेन सांजेच्या 5.00 वरांमेरेन स्वीकारतले. तात्पुरती गुणवत्ता वळेरी 20 जानेवारी 2022 दिसा नोटिस बोर्डार लायतले. अंतिम गुणवत्ता वळेरी 21 जानेवारी 2022 दिसा नोटिस बोर्डार लायतले.

मार्गदर्शन तथा प्रवेशाची पयली फेरी 24 जानेवारी 2022 दिसा जातली. पयल्या फेरयेउपरांत दिल्ल्या अभ्यासक्रमाक भरती जावपाची निमाणी तारीख 2 फेब्रुवारी 2022 आसा. मार्गदर्शन तथा प्रवेशाची दुसरी फेरी 15 फेब्रुवारी 2022 दिसा जातली. दुसऱ्या फेरयेउपरांत दिल्ल्या अभ्यासक्रमाक भरती जावपाची निमाणी तारीख 21 फेब्रुवारी 2022 आसा. शालेय सत्राक 20 फेब्रुवारी 2022 सावन सुरवात जातली. मॉप अप फेरी 28 फेब्रुवारी 2022 दिसा जातली. मॉप अप फेरयेउपरांत दिल्ल्या अभ्यासक्रमाक भरती जावपाची निमाणी तारीख 2 मार्च 2022 आसा.

मार्गदर्शन तथा प्रवेश प्रक्रिया गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्या नवो ऑडिटोरिएम तथा परीक्षा हॉलांत दनपरा 2.30 वरांसावन सूरू जातली. उमेदवारांनी सगळया मुळ आनी प्रमाणित दाखल्यांच्या प्रतिसयत दनपरा 2.00 वरांचेर प्रत्यक्ष हजर रावपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/40

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji